Aakashvani Panaji

National news

6.30 pm 19th December 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां अस्तंत बंगालाचा भेटीर आसतले . प्रधानमंत्री आपल्या भेटी वेळार नादिया जिल्ह्यांतल्या रानाघाटा हांगा राश्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचे बुन्यादि फातर बसयतले आनी उक्तावण करुन सभेंत उलोवप करतले. सुमार 3200 कोटी रुपया मोलाच्या दोन राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण ते करतले. हे प्रकल्प कोलकाता आनी सिलिगुरी हांचे मदीं एक म्हत्वाचो जोडणी आसतले . प्रवास वेळ सुमार दोन वरां उणो करपाक ते मदत करतले, जाका लागून वाहनांचो वेगान आनी सुगम हालचाल सुनिश्चीत जातलो. तशेंच प्रधानमंत्री फाल्यां सावन दोन दिसांच्या आसामाच्या भोंवडेर आसतले

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमान ह्या तीन राश्ट्रांची भेट सोंपयली. ह्या भोंवडे वेळार वेगवेगळया वाठारांनी जायत्यो म्हत्वाच्यो कबलाती जाल्यो. तांच्या तीन राष्ट्र भोंवडेच्या निमाण्या पांवड्यार भारत आनी ओमान हांचे मदीं काल जायते करार आनी संजिकायेचे कबलाती केल्यात. ओमानाच्या सुलतान हैथम बिन तारीक हांणी प्रधानमंत्री मोदी हांकां भारत-ओमान संबंदांत ताणी केल्ल्या अपवादात्मक योगदाना खातीर आनी ताच्या दृश्टीकोन फुडारपणा खातीर 'ऑर्डर ऑफ ओमान (पयलो वर्ग)' पुरस्कार फावो केलो.इथिओपियाच्या संघराज्य लोकशाय प्रजासत्ताकाच्या बायलां आनी समाजीक वेव्हार मंत्री एरेगोगी तेसेफाये हांणी प्रधानमंत्री मोदी हांच्या भेटी वेळार जाल्लीं कबलाती आपल्या देशांतल्या बायलांक मजत करतले अशे तांणी सांगले .

राष्ट्रीय राजधानींत हवेचो दर्जो इबाडत आशिल्ल्यान दिल्ली सरकार धा हजार शाळेच्या वर्गांत एअर प्युरिफायर बसयतले. हवेचो दर्जो वाडोवपा खातीर सरकाराच्या सतत यत्नांतल्यान पयल्या पांवड्यार  एअर प्युरिफायर बसयतले अशें दिल्ली मंत्री आशीष सूद हांणी सांगलें. ह्या प्रकल्पा खातीर निविदा प्रक्रिया पयलींच सुरू जाल्या अशें तांणी सांगलें. फाटल्या सरकारान राष्ट्रीय राजधानीच्या ग्रीन बेल्टांत हवेच्या दर्ज्याचेर नियंत्रण दवरपी 30 टक्के केंद्रां स्थापन केल्यात असो दावो  सूद हांणी केला. byte sood

राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू हांणी हैदराबादांत राज्य भौशीक सेवा आयोगांच्या अध्यक्षांच्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण केलां. नागरी सेवकांक भरती करतना भौशीक सेवा आयोगांनी प्रामाणीकपनान  प्राधान्य दिवपाची गरज आसा हाचेर तांणी  मार्गदर्शन  केलें. तेलंगणाचो राज्यपाल जिष्णू देव वर्मा हांणी भरती प्रक्रिया आनी वेळा प्रमाण भरती करपाच्या सगळया पांवड्यार  पारदर्शकतायेचेर भर दिलो. कायदेशीर रितीन घटमूट भरती वेवस्था घटमूट करपा खातीर नलसार विद्यापीठ, हैदराबाद आनी राज्य पीएससींचो सक्रीय सहभाग हांचे वांगडा 100 म्हत्वाच्या निर्णयांचो संक्षेप तयार करपाचे काम सुरू आसा अशें यूपीएससीचे अध्यक्ष अजय कुमार हांणी सांगलें. हाचे आदीं तेलंगणा भौशीक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष बी. वेंकटेशम राज्यांतल्या भौशीक सेवा आयोग अणभवांक लक्षांत घेवन सद्याच्यो आडमेळीं पयस करपा खातीर कृती आराखडो तयार करतले अशें तांणी सांगलें. byte cm

संसदेन विकसित  भारत - रोजगर आनी अजीविका मिशनाची हमी (ग्रामीन): विकसित भारत - जी रॅम जी विधेयक, 2025 संमत केला . विकसित  भारत @2047 च्या राष्ट्रीय दृश्टीकोना कडेन जुळपी ग्रामीण उदरगत चौकटी स्थापन करपाचो यत्न ह्या विधेयकांत केला. कायद्या खाला, ज्या दरेका गांवगिऱ्या घरांतले  वांगडी अकुशळ हाताचें काम करपाक स्वयंसेवक म्हणून काम करतात, तांकां दर अर्थीक वर्सा 125 दिसांची पगार रोजगाराची कायदेशीर हमी दितले.

पुल आनी बोगदो अभियांत्रिकी, दर्यावेलो अभ्यास, संरक्षण रसद आनी एकत्रीत येरादारी नियोजन ह्या सारक्या गंभीर क्षेत्रांनी गती शक्ती विश्वविद्यालयान आपलें शिक्षणीक लक्ष

खोलायेन वाडोवपाचो निर्णय घेतला अशें केंद्रीय रेल्वे, म्हायती आनी प्रसारण आनी इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज सांगलें.

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तर प्रदेश आनी बिहारात  धुकें पडपा खातीर रेड अलर्ट जारी केला. उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांत थंड ल्हारा पाताळपाचो अदमास उक्तायला

आयज सांजवेळा चीनांतल्या हांग्झू शारांत जावपी संवसारीक  बॅडमिंटन टूर फायनलींत भारताचे सात्विकसैराज रँकिरेडी आनी चिराग शेट्टी हांचे मदीं मलेशियाचे मुखेल प्रतिस्पर्धी एरोन चिया आनी सोह वूई यिक हांचे मदीं सामनो जातलो.